०९-०१-२०२६

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

CM appointment-१५०

सरकारी कर्मचाऱ्यांनी भ्रष्टाचार विरयत लोकांक बरी पारदर्शक प्रशासकीय सेवा दिवपाच्य हेतान काम करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला. गोय नोकरभरती निवड आयोगावरवी शिरविस मेळयिल्लया उमेदवारांक नोकरीची नियुक्ती पत्रा दिवपाच्या मंत्रालयात आयोजित कार्यावळीत ते उलयताले.

निवड आयोगा वरवीं भौशिक बांधकाम खात्यातल्या 95 कनिश्ट अभियंत्यांक आनी ग्रमीण विकास यंत्रणा, वीज खाते, तशेच हेर खात्यातल्या कर्मचाऱ्यांक ह्यावेळार नेमणूक पत्रां भेतयली.सरकारी सेवां खातीर वेळापत्रक कार्यक्षम, आनी पारदर्शक,भरती प्रक्रिया सुनिश्चीत करपा खातीर गोंय सरकारान कर्मचारी निवड आयोगाक सशक्त आनी घटमूट केला, जाका लागून बऱ्या प्रशासना खातीर आनी योग्यतायेचेर आदारीत निवडीची ताची वचनबद्धताय बळकट जाल्या अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा. सरकारी शिरविस दिता म्हण सांगुन फटोवणुक करपी मनशांकडल्यान नारीकांनी सादुर रावचे. असा पद्दतीन नोकरी मेळना, जाल्यार तुमच्या पात्रतायेचेर तुमका शिरविस मेळटा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.ह्या कार्यावळीक राज्याच मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु तशेंच भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत, खात्याचे मुख्य अभियंता उत्तम पार्सेकार हाजीर आशिल्ले.

CM on Transfer - 120

सरकारी शिरवीस मेळतकच ट्रानस्फरी ( बदले) खातीर आपले कडेन येवचे न्हंय अशी शिटकावणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी सरकारी कर्मचाऱ्याकं दिल्या.

गोंयच्या तरमाट्यांनी स्पर्धा परीक्षांक बसचे, नोकरेखातीरच्यो खुपश्यो संद उपलब्ध आसाता, ताचो लाव तरणाट्यांनी घेवचो. पदवी मेळयल्या तरणाट्याक लेगीत जीपीएस्सी परीक्षेक पात्र आसता हाची जाणवीकाय नासता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

लोकायुक्त ८५

गोंयच्या लोकायुक्त पदाखातीर निवृत्त न्यायाधीश संदिप शिंदे हांच्या नावाची निश्चिती जाल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. तांच्या नावाची शिफारस उच्च न्यायालयाकडे धाडटले, न्यायलयाकडल्यान मंजुरी आयल्या उपरांत आनी निवडीची रितसर प्रक्रिया पुराय करून संदिप शिंदे हांची औपचारीक पणान लोकायुक्त पदाचेर निवड करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानी दिल्या. गोंयच्या लोकायुक्त पदाखतारी दोन नावांची निवड जाला अशी चर्चा आशिल्ली. निमणे काल हेवीशी मुखेलमंत्र्यानी म्हायती दिली. लोकयुक्ताची निवड जाल्या उपरांत प्रशासनात पारदर्शकता,जापसालदारी आनी बरी यंत्रणा चालीक लागतली तशेच भ्रश्टाचाराआड कारवाय जातली असो विस्वास लेगित तांणी उक्तायला.

फर्दीन रिबेलो १००

नगर नियोजन खात्यान Contour line नेम मोडून दोगोंर कापपाक मंजुरी दिवपी परीपत्रक सरकारान फाटी घेवचे अशी मागणी काल आदले निवृत्त न्यायाधीश फर्दिन रिबेलो हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन केला. गोंयचे पर्यावरण सामांळपाक 10 तरेच्यो सुचवण्यो तांणी निवेदनावरवी मुखेलमंत्र्याच्या लक्षांत हाडून दिल्यात. उदरगतीच्या नावान गोंयचो सभ्म जर इबाडटा आसत, जाल्यार ते थांबोवचे अशी मागणीय तांणी ह्यावेळार मुखेलमंत्र्याकडेन केली. पवर्रे मंत्रालयात फर्दीन रिबेलो हांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन हेविशी सविस्तर चर्चा केली. ते उपरातं पत्रकारांकडे उलताना तांणी ही म्हायती दिली. हे फाटंभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे विंशी गंर्भीयान लक्ष घालपाचे आस्वासन तांका दिला.

कृती दळाची बसका १००

कला अकादेमी कृती दळाची काल बसका जाली. सप्टेंबरांत केल्ले तपासणे उपरांत आयआयटी मद्रासाच्या मसुद्याच्या अहवालांत अपुरी संरचनात्मक कामां वणटींक वेऱ्यो, आनी उदक गळप अशें दिसून आयलें. ह्या फांटभुयेरं आयआयटी चेन्नयन सुरक्षेचें मुल्यांकन करपा खातीर इन्फ्रारेड & थर्मल स्कॅनिंगाची शिफारस केल्ली. कला अकादमीच्या मुतनीकरणाखातीर वट्ट 60 कोटी रुपया खर्च सरकाराक आयला. हांतुल्ले ₹50 कोटी रुपया कसलेच पुराय काम जावच्य शिवाय खर्च जाल्यात असो आरोप कृती दळाच्या समितीन केला. जाल्यार कला अकादमीच्या बाबत दर्जाच्या कामाक लागुन ₹10 कोटी दिवपाचे सरकारान आडयला अशी म्हायती तांणी दिल्या, आयआयटी चेन्नयच्या अहवालाची बेगोबेग अंमलबजावणीकरची, तशेंच एका म्हयन्यांत हय कामाचो नियाळ करपाची येवजण आसा असी म्हायती ह्यावेळार कृती दळाच्या वांगड्यांनी दिल्या.

**हवामान 46**

गोंय वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३३.७ अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 20.5 अंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.८ अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान 20.2 अंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यात हवामान सुकें आसतले.

खेळ ५०

पिलारच्या फादर ॲजेल सेंट्रल स्कुलांत 25 जानेवारीक तिरंदाजी सर्तीचें आयोजन केलां. झिटो आर्चरी क्लबच्या सहकार्यान आनी ऑलिम्पीक ड्रीम्स फ्रॉम स्ट्रीट प्रॉव्हिडन्स हांच्या तेंक्यान सर्त आयोजीत केल्या.